*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*<u>सरकारी पत्रक</u>*

**प्रधानमंत्री श्रमयोगी आनी लघू व्यापारी मानधन येवजणेविशीं जागृताय आनी नोंदणी मोहिम**

ता. 31 ऑक्टोबर 2019

प्रधानमंत्री श्रमयोगी मानधन येवजण आनी प्रधानमंत्री लघू व्यापारी मानधन येवजणेविशीं जागृताय आनी लावधारकांच्या नोंदणी खातीर कामगांर आनी रोजगार आयुक्ताच्या कार्यालयांन भौशीक सेवा केंद्राच्या सहकार्यान ता. 1 नोव्हेंबर 2019 दिसा सकाळी 9.30 वरासावन खास मोहिम आयोजीत केल्या.

ही मोहिम गोंय राज्य सहकारी बँक, सहकार संकुल, पाटो-पणजी, ईएसआयसी हॉस्पिटल, मडगांव, नगरपालिका सभाघर, कुडचडे, आशिर्वाद सभाघर, दत्तवाडी म्हापसा, टाऊन सेंटर हॉल, दिवचल, जनता वाचनालय हॉल, मुरगांव-वास्को आनी सरकारी इमारत प्रकल्प, तिस्क फोंडा हांगा जातली.

18 ते 40 वर्सां पिराये मदली खंयचीय व्यक्ती हे मोहिमेत नावनोंदणी करपाक शकता. नोंदणी खातीर आधार कार्ड आनी राष्ट्रीयकृत बँकेचो पाकबूक गरजेचो आसा.

असंघटीत क्षेत्रातले कामगांर आनी किरकोळ विक्रेत्यांनी ह्या मोहिमेत नावनोंदणी करून येवजणेचो लाव घेवचो.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2019/754

-

-